# निबंध सर्तीचो निकाल जाहीर

ता. 8 नोव्हेंबर 2018
17 कार्तिक 1940

माहिती आनी प्रसिध्दी संचालनालय आनी उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयान आयोजित केल्ल्या अखिल गोंय निबंध सर्तीत इंग्लीश गटात शीला जयवंत, शाश्वत गुप्ता रे आनी एमराल्डा बार्रेटो हांका अनुक्रमे पयले, दुसरे आनी तिसरे इनाम फावो जाले. जाल्यार कोंकणी/मराठी गटात सचिन खुटवळकर (लोकमत) आनी किशोर एस.शेट मांद्रेकर (गोमन्तक) हांका पयले आनी दुसरे इनामा फावो जाले.

राष्ट्रीय एकताय दिसा निमतान खात्यान पत्रकार आनी उद्देगीक कर्मचा-यांखातीर ''म्हजो एकजूट भारत आनी राष्ट्र बांदावळीत उद्देगांची भुमिका'' हया विशयांचेर निबंध सर्त आयोजित केल्ली.

ज्येश्ठ पत्रकार श्री. अश्विन तोंबट आनी अतिरिक्त मुखेल निर्वाचन अधिकारी श्री. नारायण नावती हे सर्तीचे परीक्षक आशिल्ले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1636